राजश्री कामत

प्रादेशिक खबरो

03.02.2026 7.25 am

गणेश १००

केंद्रीय अर्थसंकल्पातल्यान गोंयांक शुल्काच्या वाट्यांत 5,570 कोटीचो निधी मेळटलो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.ह्या अर्थसंकल्पाच्या फांटभुयेर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी पत्रकार परिशदेत ही म्हायती दिली.

ह्या वेळार पंचायत मंत्री मॉवीन गुदिन्हो आनी उदका पुरवण खात्याचे मंत्री सुभाष शिरोडकार हाजीर आशिल्ले.

अर्थसंकल्पांत दरेकी राज्याक केंद्रीय शुल्काच्या येणावळीचो वांटो मेळटा. हांतूतल्यान गोंयांक 5,570 कोटी मेळटले. फाटले वर्साच्या (2025 -26) अर्थसंकल्पांत गोंयांक जानेवारी मेरेन 1,405 कोटींचो निधी मेळ्ळा. अर्थसंकल्पांत भलायकी वाठारा खातीर बऱ्योच येवजण्यो आसा. योगा इन्स्ट्रक्टर नेमपा सयत 1 लाखा वयर पॅरामेडिकल कर्मचारी तयार करपा खातीर प्रशीक्षण दितले. हाचो गोंयांक लाव जातलो. पर्यटन, नुस्तेमारी हे येवजणेंचो लेगीत लाव जातलो, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.

सुशांत 180

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी अंदूच्या अर्थसंकल्पांत रेल्वे खातीर 2.93 लाख कोटी रुपयांची भांडवल म्हणून तजवीज केल्या आनी मंत्रालयाक वट्ट 2.78 लाख कोटी रुपया खर्च करपाक मान्यताय दिल्या. केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव आनी केंद्रीय रेल्वे राज्यमंत्री रणवीत सिंग बिट्टू हांणी व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगा वरवी घेतील्या  पत्रकार परिशदेंत हि म्हायती दिली. गोंयच्या रेल्वे खातीर 515 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या अशें रेल्वे मंत्र्यानी सांगलें. अर्थसंकल्पांतल्यान रेल्वे खातीर अत्यंत महत्वाकांक्षी आनी क्रांतीकारी घोशणा जाल्या. देशांत रेल्वे संपर्काची गती वाडोवपा खातीर 7 नवे वेगान चलपी रेल्वे मार्ग तयार करपाचो निर्णय घेतला अशें तांणी सांगलें. केंद्र सरकारान देशांतले 7000 किलोमीटर रेल्वे रस्ते वाडोवपाचो संकल्प केला. ह्या 7 कॉरिडोरांक लागून 4500 किमी रेल्वे मार्ग पुराय

जातले. महाराष्ट्र, गोंय, कर्नाटक आनी केरळ राज्यांतल्यान वचपी कोंकण रेल्वे हो देशांतलो म्हत्वाचो मार्गदर्शक टप्पो असतलो . कोंकण रेल्वेच्या एकंदर सुदारणे खातीर जायत्या प्रस्तावांचेर काम चालू आसा. ह्या प्रस्तावांक मान्यताय दिवपाची प्रक्रिया चालू आसा आनी प्रक्रिया पुराय जाले उपरांत एकंदर खर्चाचो अदमास उपलब्ध जातलो अशी म्हायती तानी दिली. मडगांवच्या कोंकण रेल्वे अधिकाऱ्यांच्या विश्रांती घरांत थळाव्या पत्रकारां खातीर आभासी व्हिडियो परिशद आयोजीत केल्ली. ह्या वेळार कोंकण रेल्वेचे उपमहाव्यवस्थापक बाबन घाटगे हाजीर आशिल्ले.

<u>सुभाष 25</u>

अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी मांडील्ले अदमासपत्रक विकासाभिमूख आसा. २०४७ मेरेन विकसीत भारताचे सपन साकार करपाक हें अदमासपत्रक मार्गदर्शक थारतले अशी प्रतिक्रिया असोचेम अध्यक्ष मांगीरिश पै रायकर हांणी दिली byte

<u>रश्मि 60</u>

अंदुचो शिगमो गोंयच्या 19 वाठारांनी 5 मार्च ते 18 मार्च ह्या काळात जातलो. शिगम्याचे खाशेले अशे आकर्शण म्हळ्यार रोमटामेळ. प्रत्येक रोमटामेळाच्या गटात सुमार १५० कलाकार वांटो घेतले. हे शिवाय पारंपारीक तशेच सैम आनी हेर तरेचे चित्ररथाची मिरवणुक जातली. सांजवेळा ४.०० ते राती १०.०० मेरेन थारायिल्ल्या वेळा भितर सगळ्यो कार्यावळी सोंपच्यो हे खातीर यत्न जातले अशें पर्यटन संचालक केदार नायक हांणी सांगले.

<u>रश्मि 90</u>

तुये हॉस्पिटलाच्या नव्या वास्तुचे उक्तावण काल जाले. ह्याफुडे तुये वाठारात वैजकीय म्हाविद्यालय आनी नर्सिग म्हाविद्यालय स्थापन करतले. बरी भलायकी सेवा दिवपाखातीर हे हॉस्पिटल महत्वाचे थारतले अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी हॉस्पिटलाचे उक्तावण केल्या उपरांत केली. Byte- cm

म्हपशेच्या जिल्हो हॉस्पिटलापरस हे चड व्हड अशे हॉस्पिटल आसतले अशे भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे सांगले. गोमेकॉचे डीन दोतोर राजेश पटिलाक ह्या हॉस्पिटलाचे नोडेल ऑफिसर म्हणून नेमणूक केला. १०० खाटींची क्षमता आसलेल्या ह्या हॉस्पिटलात सुरवेक १२ ओपीडी कार्यरत जाल्यात. जाल्यार हे हॉस्पिटल गोंय

वैजकीय म्बाविद्यालयाकडे सलग्न आशिल्लयान तशेच संशोधन केंद्र स्थापन जाल्यान आता भलायकी मळावेले उत्तर गोंयातले महत्वाचे हॉस्पिटल थारता.

<u>महेश 140</u>

पणजेंत 'गोवा पुस्तक महोत्सव 2026' नॅशनल बुक ट्रस्ट (एनबीटी), भारत सरकार, गोंय सरकार आनी समर्थ युवा फावंडेशन हांणी जोडपालवान आयोजीत भव्य पुस्तक महोत्सव पणजेंतल्या भावूसाहेब दयानंद बांदोडकर मैदानांत 4 ते 8 फेब्रुवारी 2026 मेरेन नामनेच्या व्यक्तींच्या हाजिरेंत जातलो.

<u>स्पोर्ट्स १५</u>

इंटरनॅशनल मास्टर राहुल संगमा हाणे वासुदेव वि धेंपो उकत्या फिडे मानांकन बुद्धिबळ सरतित विजेते पद पटकायले

<u>वेदर 20</u>

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 34 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 20.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.